भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजू ५००० लोकांक जेवण दिता



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जायते धर्मगुरू (फरीसी म्हण्टात) जेजूविशीं फट उलयताले. कांय जाणांनी ताका मारपाचोय यतन केलो. तो खरोच देवाचो पूत अशें तांकां दिसूंक नाशिल्लें.



एक दीस जेजू गालील दर्या पलतडी गेलो. घडये ताका सदांच ताचे भोंवतणी जमपी गर्देंतल्यान थोडो विसव जाय आशिल्लो. पूण रोखडोच लोकांक तो मेळ्ळो. जेजून व्हडले चमत्कार केल्यात हें तांकां खबर आशिल्लें. तांकां ताचे वांगडा रावपाची इत्सा आशिल्ली.




जेजून आपल्या शिश्यांक एका एकसुरे दोंगराचे
सुवातेर व्हेलें आनी थंय तो बसलो आनी
शिकयतालो. चडांत चड लोक येत रावले.
रोखडोच जेवणाचो वेळ
आयलो. सगळ्यांक भुक
लागली आसूंक जाय.

जेजू लोकां कडेन पळयलो. “तांकां खावपाक आमी खंय भाकरी विकत घेतले?” ताणें फिलीपाक विचारलें. भोंवतणीं खाणां-जेवणाचे दुकान नाशिल्ले. जेजू कितें करपाची येवजण करतालो?





“ह्या लोकांक जेवपाक एक नशीब खर्च येतलो” फिलीपान जेजूक जाप दिली. जेजू आनी ताच्या शिश्यां कडेन चड पयशे नाशिल्ले.





आन्येक शिश्य आंद्रेय
(सायमन पेद्रूचो भाव) जेजूक
म्हणालो: “हांगासर एक
भुरगो आसा, ताचे कडेन
पांच जव भाकरी आनी दोन
ल्हान नुस्ती आसा. . .”

“. . . पूण इतल्या लोकांमदीं ते कितें?” ल्हान भुरग्याच्या जेवणाक लागून जायत्या लोकांक कशें खावपाक मेळटा तें आंद्रेयाक दिसलें ना - जरी तो भुरगो आपलें जेवण जेजूक दिवपाक तयार आसलो तरी.



जेजून म्हणलें, “लोकांक बसय.” दादले बसले, तांची संख्या सुमार पांच हजार. वाह! पांच हजार! तातूंत थंय आशिल्ल्या बायलां-भुरग्यांचोय आस्पाव नाशिल्लो.



उपरांत जेजून भाकरी आनी नुस्तें घेतलें. ल्हान भुरग्यान जेजूचेर विस्वास दवरला आसतलो. जेजूक ताचें जेवण कित्याक जाय, वा जेजू ताचे कडेन कितें करतलो तें ताका कळ्ळें ना. ताका दिसलें आसूं येता, “हांव म्हजें जेवण दिल्यार म्हाका जेवंक मेळना.” पूण तरी लेगीत ताणें तें जेजूक दिलें.



मागीर, जेजून मागणें
केलें. ताणें देवाचे उपकार
मानले. पांच भाकरी आनी
दोन नुस्त्यां खातीर?
हय! जेजून देवा कडेन
“धन्यवाद” म्हणलें आनी
देवाक जेवणाक आशीर्वाद
दिवपाक मागलें.



मागणें केल्या उपरांत, जेजून भाकरी आनी नुस्तें मोडून व्हड गर्देंत वांटून घेवपी शिश्यांक दिलें. तेन्नाच लोकांक जेजून केल्लो चमत्कार दिसलो. दर एकल्यान जाय तें सगळें खाल्लें. तरी लेगीत भाकरी आनी नुस्तें सोंपलें ना.



सगळयांक जेवण दिल्या उपरांत अजूनय खूब भाकरी आनी नुस्तें उरलें. “कांयच वचचें न्हय म्हणून कुडके एकठांय करात” जेजून शिसांक सांगलें. जेवल्ल्या लोकांनी उरिल्ल्या पांच जव भाकरींच्या कुडक्यांनी तांणी बारा टोपली भरली.



त्या दिसा जेजून ५००० वयर लोकांक
ल्हान भुरग्याच्या जेवणान जेवण दिलें.
दुसरे खेपे ताणें ४००० वयर लोकांक
सात भाकरी आनी थोडें नुस्तें
दिवन जेवण दिलें.



सादारण लोकांनी हीं चिन्नां पळोवन, तांकां फरीसी लोकांभशेन राग आयलो ना. ताचे बदलाक तांणी म्हणलें, “खरेंच होच प्रवादी जो संवसारांत येवपाचो आसा.” जेजू हो सोडवणदार, जाचें येवपाचें उतर देवाच्या पवित्र उतरांत दिल्लें हें तांकां खबर आशिल्लें.



# जेजू ५००० लोकांक जेवण दिता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जुांव ६

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16